**Panaji 02/04/2026**

**राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM**

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी सविता बर्वे तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.

भारताच्या नेटान बदलपी आकांक्षांक फकत कार्यक्षम न्हय तर नागरिक केंद्रीत प्रशासकीय मॉडेल गरजेचे आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. ताणी आयज नागरी सेवकांची क्षमता वाडोवपा खातीर 'कर्मयोगी साधना सप्तक ' चालिक लायले.

दरेका भारतीयाचे आकांक्षे प्रमाण आधुनीक, समर्पीत आनी प्रतिसाद दिवपी कामगार बळ तयार करपाक कुशळटाय विकास आयोग आनी मिशन कर्मयोगी हांचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

लोकांचे जिणेचो दर्जो सुदारप हें सरकाराचें मुखेल ध्येय आसूंक जाय हचेर प्रधानमंत्रीन भर दिलो.

केंद्र सरकारान अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाक लागून संवसारीक कच्च्या तेलाच्या पुरवणत आडमेळी आयिल्ल्याच्या फातभूयेर 30 जून मेरेन गरजेच्या वट्ट चाळीस पेट्रोकेमिकल उत्पादनांचेर शीम शुल्क माफ केलां. देशी उद्देगाक गरजेच्या पेट्रोकेमिकल पदार्थांची उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर हो तात्पुरतो उपाय केला अशें वित्तमंत्रालयान सांगलां. हाका लागून संबंदीत क्षेत्रांचेर खर्चाचो दबाव उणो जातलो, पुरवण स्थीर जातली आनी गिरायकांक थाकाय मेळटली .

चालू र्थिक वर्सा देशाची संरक्षण निर्गत 38,हजार 424 कोटी रुपया जावपाचो अदमास आसा अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलां. भौशीक क्षेत्रांतल्या उपक्रमांनी निर्गत फाटल्या वर्साच्या तुळेंत 151 टक्क्यांनी वाडल्या, जाल्यार खाजगी कंपनींच्या निर्गतींत 14 टक्क्यांनी वाड जाल्या. ही वाड भारताच्या संरक्षण उपकरणांची संवसारीक विस्वासपात्रताय दाखयता अशें मंत्रालयान सांगलें. मजगती
संवसारीक संरक्षण उपकरणां तयार करपाचें केंद्र जावपाचे दिकेन भारत नेटान प्रगती करता अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी सांगलें.

सगल्या गिरायकां खातीर प्रीपेड स्मार्ट मीटर सक्तीचे नात अशें वीज मंत्री मनोहर लाल हांणी स्पश्ट केलें.

हवाई येरादारी कार्यावळीचे सुरक्षेचेर तडजोड जावची ना अशें नागरी विमानन मंत्री के.राम मोहन नायडू हांणी आयज लोकसभेंत एका पूरक प्रस्नाक जाप दितना सांगलें. दरेक देश विमान सुरक्षेचो उंचेलो दर्जो सांबाळपाचो यत्न करता. सुरक्षे संबंदीत मार्गदर्शक तत्वां आनी नेम मुखेलपणान आंतरराष्ट्रीय नागरी विमान संघटणेन (आयसीएओ) तयार केल्यात विमान येरादारी हो आंतरराष्ट्रीय विशय आसा आनी देखून सगळ्या देशांनी हे नेम सारकेपणान पाळपाची गरज आसा अशें तांणी सांगलें.

इंडिया पोस्ट देशांतली एक मुखेल लॉजिस्टिक्स शक्त जावपाचे दिकेन नेटान मुखार वता आनी वर्स2030 मेरेन संवसारीक मान्यताय मेळोवपाचो ताचो हेतू आसा अशे केंद्रीय संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी सांगलें. सहारनपूर टपाल प्रशिक्षण केंद्राच्या (पीटीसी) ७५ व्या वर्धापन दिसानिमतान आयोजित कर्यावलीत ते उलयतले.
ह्या वेळार गोंय सरकार आनी कोचीन बंदर प्राधिकरणान पेन्शन लेखा आनी वेवस्थापन प्रणालींत सामील जावपाखातीर कबलात केल्या.

हवामान
भारतिय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेच  महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, गुजरात, तेलंगना कर्नाटक, केरळ, कोंकण आनी गोंयांतल्या कांय वाठारांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

खेळ
आयपीएल क्रिकेट सर्तीत  आयज सांजवेळा 7:30 वरांचेर कोलकाताच्या ईडन गार्डन्सांत कोलकाता नाइट रायडर्स आनी सनरायझर्स हैदराबाद पांगडा मदी खेळ जातलो .
इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे फुडले तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर